

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ३८ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ सकलजग आनंदकरा । भक्तेश्ट संपादन तत्परा । चरणां कडेन येवप्यांचे त्रितापहरा । नमन गुरूवरा तुज्या चरणांचेर ॥१॥ नम्र जावप्याक परमउदारा । शरणागत भक्तोद्धारा । करपाक लोक उपकारा । घेतला तुमी अवतार ॥२॥ जयजयाजी द्वैतदलना । जयजयाजी भक्तमनमोहना । जयजयाजी भव अपहरणा । जय करुणाघना गुरूराया ॥३॥ खंयचें भाग्य आयलें फळाक । चरण हे दिसले दोळ्यांक । भोगलो ह्या सांगाताच्या सूखसुवाळ्याक । सारिल्लो वेळ ना येवचो परत ॥४॥ फकत ब्रह्माची जी [1]मूस । ओतून शुद्ध स्वरूप रस । आकारली जी मुर्ती सुरस । तीच ती संतश्रेश्ठ श्रीसाई ॥५॥ साई तोच आत्माराम । तोच पुर्णानंदधाम । स्वता अवाप्त सकलकाम । करताले [2]निश्काम भक्तांक ॥६॥ जो सर्वधर्मविधारक । [3]ब्रह्मक्षात्रतेज एक । तांचे सयत मृत्यूचोय [3]घोटक । लक्षण हें त्रोटक जाचें ॥७॥ जल्ममरण असले संबंद । तोडटा तडतडा जो हे बंध । ताका हांव जड अंध । करतां वंदन साश्टांग ॥८॥ फाटल्या अध्यायांत भोव आवडीं । कथन केली साईनाथांची चावडी । आतां ह्या अध्यायांत हांडी । आयकात अखंडीत सूखदायी ॥९॥ सानुल्या भुरग्यान खावंक वच्चें । कितें खावप ताका खबर नासचें । दूद वा उंडी लावन भरोवचें । जतनाय ही घेवची

१. भांगर-रुपें आटोवपाचें पात्र, सांचो. २. फलइत्शे विरयत. ३. ब्रह्मक्षात्रतेजा सयत मृत्युकूय खावन उडोवपी (कठ. २/२५.)

आवयन ॥१०॥ तशीच म्हजी ही साईमाता । लेखणी दिवन म्हज्या हाता । प्रबंध हो बरोवन घेता । आवडीन आपल्या भक्तां खातीर ॥११॥ युगायुगांचें सिद्ध साधन । मनीसधर्म शास्त्रांत वचन । कृतींत तप, त्रेतांत ज्ञान । द्वापारांत यज्ञ, दान कलियुगांत ॥१२॥ सदा सर्वदा दानधर्म । भूक शांती परम वर्म । अन्नदान नित्यनेम । कर्मांत कर्म हें पयलें ॥१३॥ जातकूच बारा वरां दनपार । जीव भियेता अन्ना बगर । जशें आमकां तशेंच हेरांक । वळखतलो मन तोच बरो ॥१४॥ श्रेश्ठ आचारधर्मांत । सदांच फुडें अन्नदानांत । पळोवंक गेल्यार आनीक कोणांत । ना श्रेश्ठत्व हाचे इतलें ॥१५॥ परब्रह्मा सारकें अन्न । तातूंतल्यान भुतें जातात उत्पन्न । अन्नूच जिवाक जगोवपाचें साधन । मुकलो तो सोंपलो अन्नाक ॥१६॥ केन्नाय आयल्यार सोयरो दारांत । अन्न दिवन करचो तृप्त । उपाशीं जर धाडलो परत । आमंत्रण हें दुर्दशेक ॥१७॥ वस्त्र पात्र असल्या दानाचो विचार । अन्नदानाक नाका आदार । कोणूय केन्नाय येवं दारार । अनादर ताचो बरो न्हय ॥१८॥ अशें अन्नदानाचें म्हानपण । अशाच अर्थाचें [1]श्रुतीं प्रमाण । म्हणुनूच बाबाय करून [2]अन्नसंतर्पण । वागताले लोकीक रितीन ॥१९॥ पयसो आडको हेर दान । अन्नदाना बगर अपूर्ण । कशीं दिसत नखेत्रां चंद्रा वीण । सोबतलो हार पदका वीण कसो ॥२०॥ स रसांनी जशें वरण । पुण्ण्यांत पुण्य अन्नदान । शिखर सोबना कळसा वीण । साळका बगर माळ तशी ॥२१॥ भजन जशें प्रेमा वीण । कुकमा बगर सवायशीण । सुस्वरा बगर गाण्याचो शीण । ताक पचकें मिठा बगर ॥२२॥ तातुंतूय दुर्येस शक्तीहीण । कुड्डे लुळे भेड्डे [3]दीन । तांकां पयलीं घालचें अन्न । सोयरेधायरे तांचे उपरांत ॥२३॥ आतां बाबांच्या हांड्याची येवजण । दिवची श्रोत्यांक

१. तैत्तिरीयोपनिषद्, अ.३. २. अन्न दिवन तृप्त करप. ३. गरीब.

जाणीव करून । म्हणून करतां हे अल्प यत्न । इत्सूक भक्तां खातीर ॥२४॥ मशिदीच्या आंगणांत । चूल एक व्हड करीत । वयर व्हडलें आयदन दवरीत । उदक ज्युस्त घालून ॥२५॥ केन्ना 'मिठ्ठे चावल' करीत । केन्ना पुलाव मासमिश्रीत । केन्ना पिठाचीं मुठलीं वळीत । वरणां करताले दाळीचीं ॥२६॥ केन्ना करून पिठाचे रोडगे । वा थापून पिठाचे पानगे । सोडटाले शिजपी वरणांत [१]अंगे । मुठल्यां वांगडा सवकासायेन ॥२७॥ मसालो फातरीर वांटून । स्वता रांदताले जेवण । मुगवड्यो स्वता करून । हळूच सोडटाले हांड्यांत ॥२८॥ सर्गलोक मेळचो हे आशेन । यज्ञा खातीर मोनजातीक मारून । [२]पुरोडाश खातात ब्राह्मण । शास्त्रोक्त हिंसा ही म्हणटात ॥२९॥ तशेच मुल्लाक सांगून । शास्त्रोक्त मंत्र उच्चारण करून । बाबाय करीत बोकडाचें [३]हनन । पूर्ण विधिविधाना सयत ॥३०॥ केन्ना व्हड केन्ना ल्हान । हांड्याचे ते प्रकार दोन । अन्न तातूंत शिजोवन । वाडीत जेवण भुकेल्ल्यांक ॥३१॥ पन्नास जाणांक पावपा सारकें अन्न । शिजयतालो तो हांडो ल्हान । जातूंत जेवन शंबर जाण । उरतालें अन्न तो व्हडलो ॥३२॥ ते खातीर वाणया कडेन । थारायताले आंकडे स्वता वचून । उदारेचो थंय नासलो प्रस्न । दिताले मेजून रोखड ॥३३॥ मीठ मिरसांगो जिरें मिरें । भाजीपालो नाल्ल खोबरें । स्वता बाबा हाडटाले सगलें । ज्युस्ताज्युस्त थारावन ॥३४॥ उपरांत मशिदींत बसून । दातें स्वता मांडून । गंव दाळ जोंधळे घेवन । बाबा थंय दळटाले ॥३५॥ हांड्या खातीर मुख्य परिश्रम । बाबा स्वताच करताले अविश्रम । मसालो वांटपाचेंय काम । करताले परम मनोभावान ॥३६॥ करपाक सौम्य वा खर । चुलींतलो तो [४]वैश्वानर । लांकडांय स्वताच सकयल वयर । करताले परत परत ॥३७॥ दाळ घालून

---

१. स्वता. २. होमांत घालपाचें द्रव्य. ३. हल्लार. ४. उजो.

फुगपाक । स्वता लागताले फातरीर वांटपाक । हींग जिरें कोथमीरीचें रुचीक । करताले खावपाक स्वताच ॥३८॥ कालोवन पिठाचे गुळे । करून सवाय हात [1]वेंटोळें । लाटून मागीर ते सगलें । करताले पोळे भरपूर ॥३९॥ जोंधळ्याच्या पिठांत । उदक घालून ज्युस्त । करून तें ताकमिश्रीत । आंबिलूय करताले हांड्यांत त्या ॥४०॥ तीय आंबील परम प्रेमान । हेर अन्ना वांगडा दिताले वाडून । बाबा स्वताच व्हड आदरान । सगल्यांक त्या वेळार ॥४१॥ आसूं, हांडो शिजलो पूर्ण । अशी नीट खात्री करून । चुली वयल्यान देवोवन । दवरताले व्हरून मशिदींत ॥४२॥ मौलवी कडल्यान विधिपुर्वक । [2]'फात्या' दिवन त्या अन्नाक । प्रसाद धाडटाले म्हाळसापतीक । तशेंच तात्याक सुरवातीक ॥४३॥ मागीर तें उरिल्लें अन्न । बाबा स्वता दिताले वाडून । गरीब दुबळे तृप्त जावन । जाताले परम धादोशी ॥४४॥ ते भुकेल्ले पोटभर । अन्न जेवताले धेंकर येसर । तरीय बाबा ते तृप्त जायसर । घेयात म्हणटाले प्रेमान ॥४५॥ कितलें तांचें पुण्य गहन । जांकां हें मेळ्ळें तृप्तीभोजन । स्वता बाबा दिताले वाडून । कितले धन्य ते भाग्याचे ॥४६॥ हांगा येता दुबाव एक । प्रसाद म्हणून बाबा लोकांक । मासाचें अन्नूय बऱ्याच भक्तांक । वांट्टाले कित्याक दुबावा विरयत ॥४७॥ तरीय ह्या दुबावाचें कारण । पयस करपाक लागना [3]शीण । जे सदांच करीत मासभक्षण । तांकांच हें अन्न वाडटाले ॥४८॥ जे जीणभर केन्ना खायनात । तांकां दिनासले लावपाक हात । केन्नाच करिनासले असलें धाडस । आवड तांकांच दिताले प्रसाद ॥४९॥ गुरून स्वता प्रसाद दितकूच । खावपा विशीं दुबाव घेतकूच । शिष्य करून घेता आत्मघातूच । जाता अध:पतन ताचेंच ॥५०॥ ह्या तत्वाची कितली वळख ।

---

१. लोळगो. २. खाशेली प्रार्थना. ३. खेद.

जाल्या आपल्या भक्तांक। हाची करून घेताले पारख। फकांडां आनी विनोदांतल्यान ॥५१॥ ह्या अर्थाची ल्हानशी वार्ता। याद जाली जी बरयतां बरयतां। श्रोत्यांनो आयकात स्वस्थचित्ता। तुमच्याच हिता खातीर ॥५२॥ आयली एकदां एकादस। बाबांनी म्हणलें [1]दादांक। ''वचून मातसो कोऱ्हाळ्याक। शाकोती हाडशीत व्हय म्हजे खातीर'' ॥५३॥ म्हणून साईंनी रुपया काडले। दादां कडेन मेजून दिले। ''यादीन वच'' आज्ञेन सांगलें। ''तुवेंच हें करपाक जाय'' ॥५४॥ नांव गणेश दामोदर। आडनांव जांचें केळकर। आशिल्ल्यान ते वयस्कर। दादाच सगले म्हणटाले ॥५५॥ हरी विनायक साठ्यांचे मांव। साईचरणीं श्रद्धा भोव। ब्राह्मण ब्रह्मकर्मांत आदरभाव। आचार विचार संपन्न ॥५६॥ करतकूच दीसरात निजगुरू सेवा। इत्सा उरना जांच्या जिवा। तांकां हे आज्ञेचो नवलावा। दिसलोना कशें तें कळना ॥५७॥ गात्रां जाचीं अविकळ। जाका पूर्व अभ्यासाचें बळ। ताचें मन केन्नाच ना चंचळ। बुद्धीय अचळ गुरूचरणीं ॥५८॥ धनधान्य वस्त्र अर्पण। हेंच न्हय दक्षणादान। गुरू आज्ञेचें अनुश्ठान। गुरूसमाधान दक्षणा ॥५९॥ काया वाचा मन हांची। करता जो उंवाळणी सगल्यांची। अखेरेक जो मेळयता गुरूकृपेची। प्राप्ती ताची निजश्रद्धा ॥६०॥ मागीर ती आज्ञा नम्र मानून। बेगोबेग आयले मुस्तायकी करून। वचपाक लागले गांवा वटेन। तेन्ना आपयले परत ॥६१॥ ''आरे ही खरेदी करपाक। धाड न्हय आनीक कोणाक''। म्हणलें ''वचपा येवपाचो त्रास। करूं नाका कश्ट बेठेच'' ॥६२॥ मागीर ती शाकोती हाडपाक। दादांनी धाडलो पांडू गड्याक। इतल्यान बाबांनी म्हणलें दादांक। कितें तें आतां आयकात ॥६३॥ पांडू गेलो वचपाक। पळोवन

---

१. दादा केळकर.

ताका लागिल्लो वाटेक । आसूं म्हणलें आयच्या दिसाक । आपय ताका परत ॥६४॥ अशीच फुडें एका तेंपार । हांडो करपाची आयली लहर । हांडो चडयलो चुलीचेर । शाकोती ओतली तातूंत ॥६५॥ तांदूळ धुवन घाले तातूंत । गरजे प्रमाण ओतलें उदक । लांकडां सारून सकयल चुलींत । बसले बाबा तीं फुंकीत ॥६६॥ गांव सगलो तांचे आज्ञेंत । कोणूय खोसयेन बसपाचे फुंकीत । पूण बाबांची आज्ञा जर नासत । जायनासलें धाडस कोणाकूच ॥६७॥ जेवण पसून रांदून हाडपाक । फकत आज्ञेचीच गरज एक । उमळशीक तिचीच सगल्यांक । पूण साईच उदास ते खातीर ॥६८॥ उदास म्हणपूय न्हय सार्थ । स्वता रांदपांत जाचो सुवार्थ । तो कश्ट कित्याक दीत हेरांक । करूंक अन्नदान परक्यांक ॥६९॥ स्वताक पोटा पुरतें मेळोवंक । जो भोंवतालो गांवांत भिक्षेक । भाकरेचो कुडको मागपाक । लोकांच्या दारादारांनी ॥७०॥ तोच करपाक अन्नदान । सोंसतालो जेन्ना कश्ट आपूण । तेन्नाच मेळटालें समाधान । रावनासलो पातयेवन कोणाचेरूच ॥७१॥ शंबर लोकांचें जेवण । जातलें इतलें पीठ घेवन । जाय तसली दाळ वेंचून । हाडटाले स्वताच वचून पसऱ्यार ॥७२॥ पोती घेवन स्वता हातांत । भुसारी पसऱ्यार जे वतात । तांणी चोख कशें आसचें वेव्हारांत । लोक हें शिकताले बाबां कडल्यान ॥७३॥ वस्तू स्वता हातांत घेवन । करताले मोल-माप मेजून । फटोवपाक चिंतप्याचें गर्वहरण । रोखड्यारोखडें जातालें ॥७४॥ हिशेबांत सामके चोख । पयसोय दिनासले खावपाक । उदारे असलो प्रकार केन्नाच । नासलो तांचे कडेन ॥७५॥ स्वता कामाची व्हड हौस । हेरांनी केल्लें मानवनासलें खास । धरिनासले केन्ना तशी आस । दिनासले त्रास कोणाकूच ॥७६॥ हें एक बाबांचें तत्व । आसताले जागृत दीसरात । म्हणून ह्या हांड्याच्या कार्याक । मागनासले आदार कोणाचोच ॥७७॥

हांडोच कित्याक, धुनीचे लागींच । लांकडां दाळपाची जी वणत । उदेंते वटेनची तीन चतूर्थ । स्वता रचिल्ली ती बाबांनी ॥७८॥ म्हादू करतालो गुळे चिखलाचे । बाबा करताले वीट तांचे । थराचेर थर दाळीत तांचे । वणटी बांदपा खातीर ॥७९॥ आनीक बाबा कितें करिनासले । मशीद स्वता झाडटाले । कफनी लंगोट स्वता शिंवताले । धरिनासले आस कोणाचीच ॥८०॥ हांड्यांतल्यान येताली वयर । ऊब खतखत्याची भयंकर । तेन्ना बाबा हात भितर । घालून धवळीत वयर सकयल ॥८१॥ पळोवन तपलें खतखतलें । धवळपा योग्य जालें । तेन्ना बाबा अजाप दाखयताले । अगाध आपले लिलेन ॥८२॥ खंय रक्ता–मासाचो हात । खंय तपलें खतखतीत । पूण नासताली भाजिल्ल्याची खूण लेगीत । दिसनासली भिरांत मुखामळार ॥८३॥ जो पडटकूच भक्तांच्या मस्तकार वचून । त्रितापांचें करतालो निवारण । ताका कसो दुखोवंक जायत उज्याच्यान । महती खबर ना काय कितें ताका ॥८४॥ फुगिल्ली दाळ घेत । फातरीर घालून वेंचीत । स्वता [१]वाटणो घेवन वांटीत । करताले मुगवड्यो हातांनी ॥८५॥ मागीर त्यो सोडीत तपल्यांत । पोंदाक लागच्यो न्हय म्हणून धवळीत । तयार जातकूच तपलें देंवयत । प्रसाद वांटीत सगल्यांक ॥८६॥ सगल्यांक कित्याक, श्रोते म्हणटले । साईबाबा तर मुसलमान आसले । मागीर तांणी अधर्म आचरण तें असलें । केलें कशें म्हणून ॥८७॥ ह्या दुबावाचें एकूच उत्तर । धर्म आनी अधर्म विचार । साईं कडेन हें साचार । निरंतर जागताले ॥८८॥ तपल्यांतले शिजिल्ले पदार्थ । सगल्यांनी खावचेच । असो आगरो केन्नाच । करिनासले साई कोणाकूच ॥८९॥ पूण तो प्रसाद मेळपाची मनांत । जे जे आस बाळगीत । फकत तांची इत्सा पूर्ण

---

१. रगड्याचो वा फातरीचो.

करीत । सक्ती करिनासले केन्नाच ॥९०॥ कोणूच जाणीनासले तांची जात । मशिदींत रावतात म्हूण मुसलमान म्हणीत । पूण तांची वागपाची रीत । पळोवन जात कळनासली ॥९१॥ भक्त जांकां देव मानीत । जांच्या चरणीं ते मस्तक तेंकयत । कित्याक विचारतले तांची जात । परमार्थ प्राप्ती हीच मोख तांची ॥९२॥ मृत्यूलोकांत जो प्रवेशलो विरक्ती । विवेक वैराग्य संपत्ती जाची । जात कित्याक पळोवची ताची । परमार्थ प्राप्ती हीच मोख तांची ॥९३॥ धर्मा धर्मा मदली स्थिती । जाची नितळ आनंदवृत्ती । जात कित्याक पळोवची ताची । परमार्थ प्राप्ती हीच मोख तांची ॥९४॥ अशें हांव हें बाबांचें चरीत । गायतां म्हज्या सुखा पासत । जाची आयकुपाची आस आसत । पूर्ण जातलो भावार्थ ताचोय ॥९५॥ आसूं, हे कथेचें आख्यान । सांगपाचें उरलेंच पळयात परतून । बाबा दादांक सांगताले उद्देशून । लक्ष दिवन तें आयकात ॥९६॥ खारट पुलाव केल्लो आसा । पळयला व्हय कसो जाला । ''हय हय बरो जाला'' । सांगलें दादांनी बेठेंच ॥९७॥ दादा बाबांचे भक्त वरिश्ठ । स्नानसंध्या–[1]नियमनिश्ठ । पळयताले सदांच शिश्ट अशिश्ट । तांकां तें योग्य दिसलेंना ॥९८॥ ना केन्ना दोळ्यांनी पळयलो । ना केन्ना जिबेर दवरलो । तरीय म्हणीत जाला बरो । बाबांनी म्हणलें तेन्ना दादांक ॥९९॥ काड मरे तपल्याचें झांकण । पळय भितर हात घालून । मागीर स्वता तांचो हात धरून । घालो बाबांनी त्या तपल्यांत ॥१००॥ मागीर सांगलें हात काड । कांसो घे आनी ताटांत वाड । सोवळेपण धरूं नाका चड । झेत बेठोच मारूं नाका ॥१०१॥ संत म्हणटाले शिश्याक [2]बाट । कल्पनाच ही मुळांत अचाट । संत कृपेन भरल्यात दाट । तांची वाट खबर तांकांच ॥१०२॥ खऱ्या प्रेमाची लहर येतां ।

---

१. कडकडीत नेम पाळपी. २. बाटप.

आवय पसून भुरग्याक चिमटो काडटा । मागीर तें जेन्ना आरड मारता । धरता तीच पोटा कडेन ।।१०३।। अभक्ष खावपाक जाचें मन । ताची इत्सा करताले पूर्ण । तेंच जाचें ठाम मन । दिताले अनुमोदन ताका साई ।।१०४।। ही आज्ञापालन लहर । पावताली बरेंचदां तेंगशेर । स्पर्श केलोना जांणी मासाक जीणभर । तांचो भरवसो डळमळटालो ।।१०५।। वस्तुस्थिती गेल्यार पळोवंक । बाबा आपल्या भक्तांक । स्वता उर्बा दिनासले वचपाक । वायट मार्गान केन्नाच ।।१०६।। आसूं, वर्स एकुणीसशें धांत । त्या वर्सा आदीं पळयात । योग हो हांड्याचो बरेच फावट । आयलो खुशालकायेचो ।।१०७।। थंयच्यान फुडें मुंबय शारांत । दासगणू पावले भोंवत । साईमहात्म्याचें किर्तन करीत । पावयलें लोकांच्या काळजा मेरेन ।।१०८।। व्हडपण बाबांचें तातूंतल्यान । पावलें जाणट्यांनेणट्यां मेरेन । वळ्ळे लोक शिरडी वटेन । गणटी तांची अशक्य ।।१०९।। फुडें पुजा पंचोपचार । निवेद्याचे अनेक प्रकार । सुरू जाले आहार–उपहार । दनपार तिनपार बाबांक ।।११०।। वरण भात शिरो पुरी । चटणी कोशिंबीर भाकरी । पंचामृत खीर तरातरांची । जेवण साहित्यूय लागलें पावपाक ।।१११।। वाडली गर्दी उपाट । सगलेच दर्शनाक धांवत । साईचरणीं निवेद्य ओंपीत । भुकेल्ल्यांची तृप्ती आपसूक ।।१२२।। जावपाक लागलो राजोपचार । ढळपाक लागलीं चंवऱ्यो चामर । ताळ घोळ वाद्य गजर । वाडलो परिवार भक्तांचो ।।११३।। म्हयमा वाडलो सगल्याक । लागले स्तुती स्तोत्रां गावपाक । फुडें शिरडी जालें तीर्थक्षेत्र एक । परम पवित्र भक्तां खातीर ।।११४।। तातूंतल्यान हांड्याचें काम सोंपलें । निवेद्य अफाट येवपाक लागले । फकीर फुकटे धादोसपाक लागले । उरपाक लागलें अन्न बरेंच ।।११५।। आतां सांगतां कथा आनीक । आयकून जातली खोस मनाक । आवडनासलो केन्नाच बाबांक । जाल्लो अनादर

पवित्र वस्तूचो ॥११६॥ लावन तर्क मना प्रमाण । कोण साईक म्हणटाले ब्राह्मण । कोण म्हणीत मुसलमान । पूण ते जातीपाती विरयत ॥११७॥ ना जांचें ठावठिकाण । खंयचे जातींत केन्ना जल्म । मातापित्याचेंय नासतना ज्ञान । लायताले शिक्के जातीचे ॥११८॥ आसले जर मुसलमान । कशें मशिदींत अग्नी [१]आराधन । आसपाचें व्हय तुळशी वृंदावन । घांट वाजोवप जावपाचें कित्याक ॥११९॥ करपाक दिताले शंख वादन । अखंड कथा किर्तन । ताळ घोळ पखवाज वादन । हरिनाम गर्जन मशिदींत ॥१२०॥ आसले जर मुसलमान । स्वता मशिदींत बसून । करपाक दिवपाचे व्हय गंध चर्चन । एकठांय जेवण करपाचे कित्याक ॥१२१॥ आसले जर मुसलमान । आसपाचे व्हय तोपिल्ले कान । पयशे पदरचे मोडून । जिर्णोद्धार देवळाचो करपाचे कित्याक ॥१२२॥ न्हेसताले कित्याक न्हातकर । महावस्त्र पितांबर । तसोच आराध्य देवाचो अनादर । केल्यार खपनासलो मात्सो पसून ॥१२३॥ ह्या अर्थाची बोधक कथा । स्मरली जी बरयतां बरयतां । सांगतां भोव आदरान आतां । आयकात शांत चित्तान ॥१२४॥ पळयात एकदां अशें घडलें । बाबा व्हाळा वयल्यान परतले । मशिदींत येवन बसले । आयले भक्त दर्शनाक ॥१२५॥ तांचे मदीं आवडटे बाबांचे । आसले भक्त [२]चांदोरकर नांवाचे । आसले ते भुकेल्ले दर्शनाचे । आयले [३]बिनीवाल्यांच्या सांगातान ॥१२६॥ साईनाथांचें घेवन दर्शन । बसले फुड्यांत दोगूय वचून । गजाली चलिल्ल्यो इतल्यान । तिडकले बाबा अचकीतूच ॥१२७॥ म्हणलें नाना तुमचे कडल्यान । जावचें कशें हें विस्मरण । हेंच मेळयलें म्हजे कडल्यान । इतले दीस रावून सांगाताक ॥१२८॥ तुवें म्हजी केली संगत । हीच व्हय तिची गत । कशी गेली तुजी बुद्द । इतले

---

१. धुनीची पुजा. २. नानासाहेब चांदोरकर. ३. नानासाहेबांचे साडू.

बेगीन, सांग म्हाका ॥१२९॥ नाना तकली बागोवन । चिंतपाक लागले रागाचें कारण । पूण जायना जालें स्मरण । जालें मन तांचें दुखेस्त ॥१३०॥ चुकलें खंय सुचना कांयच । रागाक कारणूय दिसना कसलेंच । पूण घडनासतनाय कितेंच । बाबा दुखयनासले कोणाक ॥१३१॥ म्हणून बाबांचे पांय धरले । तरातरांनी तांकां विनयले । अखेरेक नानांनी हात पसरले । विचारलें कारण रागाचें ॥१३२॥ ''वर्सांचीं वर्सां म्हजो सांगात । आसतना कित्याक तुजी ही गत । अशी कशी गेली तुजी बुद्द'' । विचारलें बाबांनी नानांक ॥१३३॥ ''कोपरगांवाक केन्ना आयलो । प्रकार वाटेक कसलो घडलो । मार्गांत मदीं खंय देंवलो । टांगो व्हेलो मरे तुवें सरळ ॥१३४॥ प्रकार कसलो घडलो वाटेक । पूर्ण आयकुचो दिसता मनाक । सांग सगलो एकान एक । आसूं व्हड वा तो ल्हान'' ॥१३५॥ हें आयकतकूच नानांक कळ्ळें । तत्काळ तांचें तोंड पडलें । सांगपाक जरी मनांत शरमले । तरीय तें सांगलें पुराय ॥१३६॥ दाखयलिपय चलचेंना । वळखलें तांणी हें मनां । मागीर कांयच चुकयनासतना । सांगलें सगलें श्रीसाईंक ॥१३७॥ फट चलना साईं कडेन । साई मेळना फटिंगपणान । फट हें अधोगतीचें लक्षण । अखेरेक दुर्गती फटिंगाची ॥१३८॥ गुरू कडेन फटिंगपण महापाप । अशक्य ताची [1]फेड करप । वळखून नाना हें बाबांक । लागले सविस्तर सांगपाक ॥१३९॥ म्हणलें पयलीं टांगो आपयलो । थेट शिरडीचो थाराव केलो । गोदेचे देगेवयलो दत्त मेळटलो । बिनीवाल्यांक त्या निमतान ॥१४०॥ बिनीवाले दत्तभक्त । मेळटकूच दत्तमंदीर मार्गांत । देंवपाची इत्सा जाली मनांत । घेवंक दर्शन श्रीदत्ताचें ॥१४१॥ पूण आसली घाई म्हाका । हांवेंच तांकां म्हणलें नाका । शिरडीच्यान परत येतना । घेवया दर्शन

---

१. प्रायश्चीत.

सवकासायेन ॥१४२॥ आतां जाल्यार असो उतावीळ । शिरडीक पावपाक जातलो वेळ । म्हणून हांवें केली टाळाटाळ । भेट घेतलीना दत्ताची ॥१४३॥ फुडें, न्हातना गोदावरींत । कांटो एक तोपलो पांयांत । वाटेक त्रास जाले आकांत । काडलो ओडून यत्नांनी ॥१४४॥ तेन्ना बाबांनी शिटकावणी दिली । ''ताकतीक न्हय बरी इतली । तरी कांट्याचेरूच सुटका जाली । करून अनादर दर्शनाचो ॥१४५॥ दत्ता सारकें पुज्य दैवत । आसतनाय सहज मेळिल्लें मार्गांत । अभागी जो दर्शन टाळीत । ताका कसो हांव पावतलों'' ॥१४६॥ आतां आसूं हांड्याची खबर । साईं वांगडा मशिदी भितर । दनपारच्या जेवणाची पावनता अपार । कितली भक्तप्रेमळटाय श्रीसाईंची ॥१४७॥ दनपारची पुजा जाले उपरांत । जाताली सदांची साईंची आरत । भक्त मागीर जेन्ना घरा परतत । साई दिताले बिबूत दरेकल्याक ॥१४८॥ बाबा मशिदीच्या दारांत । येवन उबे रावत । भक्त तिश्टताले आंगणांत । घेताले दर्शन एक एकलो ॥१४९॥ चरण दर्शन घेतले उपरांत । उबो जो रावतालो फुड्यांत । बाबा स्वता काडून बिबूत । लायताले तांच्या कपलाक ॥१५०॥ ''आतां तुमी सगले समस्त । जेवपाक आपापल्या घरा वचात'' । अशी आज्ञा मेळ्ळे उपरांत । लोक लागताले वचपाक ॥१५१॥ जातकूच मागीर बाबांची फाट । पड्डो ओडपाची आसली वयवाट । ताटां वाटयांचो खणखणाट । जातालो थाट प्रसादाचो ॥१५२॥ साईंच्या स्पर्शान जाल्लो शुद्ध । उरिल्लो निवेद्य मेळचो परत । म्हणून वाट पळयत । बसताले आंगणांत अनेक ॥१५३॥ ते वटेन निंबरा कडेन । बाबा जेन्ना बसताले फाट करून । पंगतींचो थाट दोनांय वटेन । खोस उपाट सगल्यांक ॥१५४॥ जो तो आपलो निवेद्य दवरीत । व्हरून श्रीसाईंच्या फुड्यांत । मागीर तेय एका ताटांत । करताले एकठांय सगलो स्वताच ॥१५५॥ तें बाबांच्या हातांतलें

शीत । मेळपाक जाय भाग्य अमीत । जातूंतल्यान खावपी [1]सबाह्य पुनीत । जाली जीण ताची सफळ ।।१५६।। वडे [2]अपूप [3]सांजोऱ्यो पुरयो । केन्ना शिखरिणी [4]घारगे फेणयो । कोशिंबीर खीर अनेक भाजयो । बाबा सगल्यो एकठायताले ।।१५७।। अशें मागीर तें अन्न । बाबा करताले ईश्वरार्पण । मागीर [5]शामा [6]नानां कडल्यान । घेताले वाडून ताटां भरून ।।१५८।। मागीर एक एकल्याक आपोवन । आपले सरेन बसोवन । व्हड खोसयेन आपलेपणान । दिताले जेवण पोटभर ।।१५९।। रुचीक तुपान जो सुखावलो । पोळीवरणा वांगडा भरसलो । असो करून गोड [7]कालो । बाबा वाडीत सगल्यांक ।।१६०।। खातकूच ही प्रेमाची खिचडी । कितली ब्रह्मानंदाची गोडी । खावपी गेलो बोटां अखंडीं । चोखीत संतुश्ट तृप्तीन ।।१६१।। केन्ना मांडे पुरणपोळयो । केन्ना साकरेंत घोळयिल्ल्यो पुरयो । केन्ना बासुंदी शिरो नेवऱ्यो । वाडटाले रेवड्यो रुचीक ।।१६२।। केन्ना धवोच आंबेमोहर । ताचेर वन्न सुंदर । तूप [8]लोणकढें रुचकर । वयर भाजयो तरातरांच्यो ।।१६३।। लोणचें पापड आनी रायतें । तरेकवार भजीं भरतें । [9]क्वचिदाम्लदधितक्रपंचामृतें । धन्य ते खावपी दिव्य अन्न ।।१६४।। जंय जेवपी श्रीसाईनाथ । जेवणाची ताका कसली [10]मात । भक्त थंय पोटभर जेवीत । धेंकरूय दिताले तृप्तीचे ।।१६५।। उंडये उंडयेंत समाधान । तृप्ती पुश्टी भूक नाशन । अशें तें गोड सुग्रास अन्न । परम पावन प्रेमाचें ।।१६६।। उंडये उंडयेच्या नांवान समस्त । दिव्य अन्नाच्यो आहुती दीत । आयदन मात भरिल्लेंच उरत । वाडलें तरी कितलेंय ।।१६७।। ज्या पक्वान्नाची जाका आस । प्रेमान

१. भायरभितर. २. अनरसो, एके तरेचें पक्वान्न. ३. सांजो घाल्ल्यो नेवऱ्यो. ४. एक तळिल्लो पदार्थ. ५. माधवराव देशपांडे. ६. नानासाहेब निमोणकर.
७. खिचडी. ८. लोणी घालून केल्लें. ९. मातशें आंबट, मातशें गोड अशें धंय, ताक हांच्या मिश्रणाचें पंचामृत. १०. उणाव.

ताका तें तें वाडीत । जांकां आंब्याचो रोस आवडत । दिताले तांकां तो प्रेमान ।।१६८।। अशें हें अन्न वाडपाक । नानासाहेब निमोणकरांक । वा माधवराव देशपांड्यांक । सांगीत बाबा दीसपट्टे ।।१६९।। तांचोय नित्य नेम । निवेद्य वाडप हेंच काम । म्हणून करीत अखंड परिश्रम । परम भक्तीन साई वयले ।।१७०।। शीत रुचीक जिरेसाळी । जशी मोगरेची कळी । वयर तोरची दाळ पिवळी । तूप पळी पळी सगल्यांक ।।१७१।। वाडटना येतालो वास घमघमीत । चटण्यो घालून जेवण चमचमीत । नासतालें केन्नाच अर्दकच्चें, पचपचीत । पोटभर खात्रीन जेवताले ।।१७२।। त्यो स्वानंदताटांतल्यो शेवयो । प्रेमळ भक्तीच्यो [1]कुरडियो । कोण जेवपाक येतलो । शांतीसूख अणभव घेवप्या बगर ।।१७३।। 'हरिरन्नं हरिर्भोक्ता' । हरीच रोसाची रूच चाखता । धन्य थंयचो जो अन्न वाडटा । धन्य तो खावपी, दिवपीय ।।१७४।। हे सगले गोडयेचें जें मूळ । ती एक निश्ठा गुरूचरणीं प्रबळ । गोड न्हय साकर–[2]गूळ । गोड ती समूळ श्रीश्रद्धा ।।१७५।। अशे नित्यश्रीर्नित्य मंगळ । खीर शिरो खिचडेची चंगळ । ताटाचेर बसतकूच [3]टंगळमंगळ । चलनासली थंय इल्ली पसून ।।१७६।। तरातरांचें खाणजेवण । जेवन जातकूच पोट भरून । धंयभाता बगर तृप्ती ना म्हणून । ताक तरी मागताले ।।१७७।। एकदां शुद्ध ताकाचो पेलो । जो गुरूरायान स्वता भरलो । प्रेमान म्हाका पियेवपाक दिलो । लायलो हांवें तो ओंठांक ।।१७८।। तेन्ना धवें शुद्ध ताक पळोवन । मन जालें समाधान । पेलो तो ओंठांक लावन । जालों खुशालभरीत ।।१७९।। आदींच पक्वान्नांनी तृप्त पोट । थंय हें कशें जातलें प्रविश्ट । दुबाव असो घेतकूच क्लिश्ट । घोंट तो लागलो रुचीक ।।१८०।। पळोवन असो म्हाका दुबावीत । बाबा भोव

---

१. तांदळांच्या पिठाचो तळिल्लो वाटकुळो पदार्थ. २. गोड. ३. गर्दी.

काकुळटेन म्हणीत । ''पियेवन घे रे तें समस्त'' । योग हो परत मेळचो ना ।।१८१।। आसूं, फुडें दोनूच म्हयन्यांनी । दाखयलो ताचो अणभव बाबांनी । सोंपयलो आपलो अवतार तांणी । पावले खरेच निर्वाणाक ।।१८२।। ताकाची त्या तान भागोवपाक । आतां मार्ग ना आनीक । साईकथामृतपान होच एक । उरला मार्ग आमकां ।।१८३।। हेमाड साईनाथांक शरण । साईच दितले फुडें जें स्मरण । ताचेंच जातलें कथा निवेदन । श्रोत्यांनी राखचें अवधान आपलें ।।१८४।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । हांडोवर्णन नांवाचो हो आठ्ठिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ।।

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍